12.09.2025 7.20pm

<u>कबलात</u>

केंद्रीय भु विज्ञान मंत्रालयाच्या Indian national centre of ocean information services आनी गोंय विद्यापीठाच्या school of earth ocean and atmospheric science आनी national disaster managment authority हांच्या मदी आयज दर्यादेग आनी आपत्ती वेवस्थापनावीशी संशोधन करपाच्या हेतान आयज कबलात जाल्या.दर्यांतल्या घडपी सैमीक आपत्ती वीशी ह्या संशोधनावरवी म्हायती मेळप सोपे जातले, हांतुल्ल्यान गोंयच्या दर्यादेगेची राखण जातली.नुस्तेमार, दर्यादेगेर आशील्ले गांव, पर्यटकांची राखण करपा खातीर प्रगत सल्लो आनी डेटा ह्या संशोधनावरवी मेळटले अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.ह्यावेळार उलयतना गोंय विद्यापीठाचे कुलगुरू हरीलाल मेनन हांणी म्हणले की गोंय विद्यापीठावतीन दर्याच्या खंयच्या भागात चड नुस्ते आसा ताची म्हायती दीवपी खासा एॅप गोंय विद्यापीठ तयार करता.ह्या ॲपाचो गोंयच्या रापणकारांक फायदो जातलो अशी म्हायती तांणी दील्या.ह्यावेळार indian national centre of ocean information service चे संचालक दोतोर बालाकृश्णन नायर, तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले.ह्या कार्यावळीउपरांत marine multi hazard services for the indian coastline ह्या वीशयाचेर परीशद जाली.ह्या कार्यावळीत गोंय विद्यापीठाच्याा विद्यार्थ्यांसयत नौदळ,coast guard, बंदराचे अधिकारी,नुस्तेमार खाते,तशेंच बिगर सरकिरी संघटनाच्या प्रतीनीधीनी वाटो घेतील्लो.

<u>अधिवेशन</u>

मडगांव: राष्ट्रीय आदिवासी समन्वय मंच आनी गाकुवेध फेडरेशन गोंय हांच्या जोडपालवान आयोजीत केल्ल्या धाव्या आदिवासी राष्ट्रीय अधिवेशनाची आयज नावेलीच्या मनोहर पर्रीकार इंडोर स्टेडियमांत सुरवात जाली. आयज ह्या अधिवेशनाचें उक्तावण आदिवासी समन्वय मंचाचे अध्यक्ष डॉ. सुनील पर्हाड, निमंत्रक व सल्लागार अशोक चौधरी, गाकुवेध फेडरेशनचे अध्यक्ष गोविंद शिरोडकर, सल्लागार रवींद्र वेळीप तसेच राज्यातल्या आनी देशातल्या हेर आदिवासी नेत्यांचाे आस्पाव आसलो. दिवली पेटोवन ह्या संमेलनाचे उक्तावण जाले.ह्यावेळार आसाम आनी अरुणाचल प्रदेशांतल्या प्रतिनिधींनी आपल्या राज्यांतले पारंपारीक नाच सादर केले.ते उपरांत गोविंद शिरोडकार हांणी

सगळ्यांक येवकार दिवन ह्या अधिवेशनाचो मुखेल उद्देश सांगलो. ह्या अधिवेशनांत सुमार 25 राज्यांतले सुमार दोन हजार प्रतिनिधी हाजीर आशिल्ले अशी म्हायती आयोजकांनी दिली.आयज दरेका राज्यांतल्या प्रतिनिधींनी आपल्यो समस्या आनी गरजो सांगल्यो आनी त्यो सुटावे करपा खातीर खंयचे उपाय करचे पडटले हाचेर विचारांचो आदान-प्रदान केलो.सांजवेळाच्या परिसंवादांत आदिवासी समाजांतल्या तज्ञांनी सैमा मुखार आशिल्लीं आव्हानां आनी उपाय, भारतीय संविधानांत आदिवासीं खातीर केल्ली तरतूद, पारंपारीक आनी कायदेशीर हक्क, आंतरराष्ट्रीय देशी हक्क हांचे विशीं आपले विचार मांडले. सांजवेळार सांस्कृतीक कार्यावळ घडोवन हाडली.

फाल्यां सकाळीं 9 वरांचेर लोहिया मैदान सावन मनोहर पर्रीकार इनडोर स्टेडियम मेरेन रॅली काडटले आनी उपरांत मुखेल कार्यावळ सुरू जातली. सांजवेळा जावपी समारोप सुवाळ्यांत गोंय घोशणापत्राची घोशणा जातली. ह्या अधिवेशनाचो अहवाल संयुक्त राष्ट्र संघटनेक  धाडटले अशी म्हायती गोविंद शिरोडकार हांणी दिली.

<u>मुखेलमंत्री</u>

आधुनीकतेक आपणायत पारदर्शक न्याय वेवस्था आनी गोंय खातीर योग्य, कार्यक्षम पुलीस दळ उबारखातीर गोंय सरकार आनी गृह खाते सदाच कार्यरत आसता अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा.पुलीस, अभियोग आनी न्यायालयीन 65 अधिकाऱ्यां वांगडा नव्या गुन्यांवकारी कायद्यां विशीं प्रशिक्षक प्रशिक्षण कार्यशाळेच्या समारोप कार्यावळीत  मुखेलमंत्री दोतोर  प्रमोद सावंत उलयताले.  ह्यावेळार  पुलिसांखातीर घटमुट भलायकी  मेळची ह्या हेतान गोवा पुलिसां खातीर गोवा पुलीस-योस्का ॲपमुखेलमंत्र्याच्या हस्तुकी चालीक लायले., पुलिशेत घटमुट भलायकी आशिल्ले पुलिसुच समाजाक बरी सेवा दिंवक शकतात अशे ह्यावार मुखेलमंत्र्यान म्हळा.ब्युरो ऑफ पुलीस रिसर्च ॲंड डेव्हलपमेंट कार्यावळीन मास्टर ट्रेनर तयार केल्यात जे आतां देशभरांतल्या अधिकाऱ्यांक मार्गदर्शन करतले, नव्या कायदो खर रित्या चालीक लावच्या हेतान हे प्रशिक्षण पुलिसांक  महत्वाचे थारतले अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. तंत्रगीन्यानाचो उपेग करीत बेगीन फॉरेंसिक चांचण्यो, तशेच हेर कायद्याची प्रक्रिया सुटसुटीत जावप महत्वाचे आसा अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

<u>सुरक्षा सप्तक</u>

येरादारी संचालनालयाच्या फोंडा विभागान आयोजीत केल्ल्या रस्तो सुरक्षा सप्तक कार्यावळी निमतान आयज कुट्टी फोंडा वाठारांत जागृतायेच्यो तरेकवार कार्यावळी जाल्यो. ह्या निमतान श्री अमेय विद्याप्रसारक मंडळ उच्च माध्यमीक शाळेच्या विद्यार्थ्यां खातीर आनी दादा वैद्य हायस्कुलाच्या विद्यार्थ्यां खातीर १४ व्या राज्य सुरक्षेच्या सप्तका निमतान निबंद आनी चित्रकला सर्त आयोजित केल्ली. अपघातात दुख , सुरक्षेत सुख या मध्यवर्ती संकल्पनेचेर ह्यो सर्ती जाल्यो. यशस्वी सर्तकांक येरादारी संचालनालयाच्या फोंडा विभागाचे सहाय्यक संचालक राजेश नायक आनी सहाय्यक येरादारी निरिक्षक भार्गव कोर्डे हांणी इनामां दिली. अमेय उच्च माध्यमिक विद्यालयाचे प्राचार्य सुभाष जाण , दादा वैद्य हायस्कूल मुख्याध्यापिका सुषमा पाटील ह्या वेळार हाजीर आशिल्यो. राष्ट्रीय सेवा योजना विभागाच्यो कार्यक्रम अधिकारी निशा गावडे हांणी कार्यावळीचे सूत्रसंचालन केले.

<u>सी.पी.राधाकृष्णनाक</u>

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी आयज राष्ट्रपती भवनांत जाल्ल्या सोपूत सुवाळ्यांत सी.पी.राधाकृष्णनाक भारताच्या उपाध्यक्षपदाचो सोपूत दिलो.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, आदलो अध्यक्ष रामनाथ कोविंद, श्री सी पी राधाकृष्णन हांचे आदीं जगदीप धनखर, अमित शाह, राजनाथ सिंग, जे पी नड्डा, पीयूष गोयल, नितीन गडकरी सयत केंद्रीय मंत्री हाजीर आशिल्ले.

<u>टपाल</u>

भारतीय टपाल विभागाच्या गोवा क्षेत्रातील, पणजी इथल्या पोस्टमास्टर जनरल यांच्या कार्यालयात सकाळी 11.00 वाजता ही टपाल अदालत आयोजित केली जाईल. तक्रारींचे प्रभावी निराकरण करण्याच्या उद्देशाने टपाल विभागाच्या वतीने वेळोवेळी अशा लोक अदालतीचे आयोजन केले जाते. यानिमित्ताने टपाल विभागाचे अधिकारी पीडित ग्राहकांना भेटून, त्यांच्या तक्रारींची माहिती संकलित करतात आणि त्यांचे लवकरत लवकर निराकरण व्हावे यासाठीच्या कार्यवाहीला सुरुवात करतात.गोवा क्षेत्राशी संबंधित टपाल सेवांबाबतच्या ज्या तक्रारी 6 आठवड्यांत सोडवल्या गेल्या नाहीत, अशा तक्रारी या टपाल अदालतीत हाती घेतल्या जाणार आहेत. या लोक अदालतीमध्ये टपाल, स्पीड पोस्ट, काउंटर सेवा,

बचत बँका आणि मनी ऑर्डरच्या न भरलेल्या पेमेंटसंबंधीच्या तक्रारी देखील हाती घेतल्या जाणार आहेत.नोंदवलेल्या तक्रारीमध्ये तारखा, नावे आणि ज्या अधिकाऱ्यांकडे मूळ तक्रार केली होती, त्यांचे पद अशा स्वरुपातील माहिती देणे अपेक्षित आहे. इच्छुक ग्राहक त्यांच्या टपाल सेवांबाबतच्या तक्रारी दोन प्रतींमध्ये सहाय्यक संचालक, टपाल सेवा-1, पोस्टमास्टर जनरल यांचे कार्यालय, गोवा क्षेत्र, पणजी 403001 या पत्त्यावर पाठवू शकतात. तक्रारी स्वीकारण्याची अंतिम तारीख 20 सप्टेंबर, 2025 आहे.

उझबेकिस्तानांतल्या समरकंदांत जाल्ल्या फिडे ग्रॅण्ड स्विस बुध्दिबळाच्या सातव्या फेरयेंत भारतीय ग्रॅण्डमास्टर निहाल सारीन हाणें इराणाच्या परम मघसूदलूक हारयलो.